**<u>तळावली ग्रामपंचायत प्रभाग पोटवेंचणूके निमतान सोरो विक्री आनी येरादारीचेर निर्बंध</u>**

ता. 2 डिसेंबर 2019

साश्ट तालुक्यातल्या तळावली ग्रामपंचायतीच्या प्रभाग 1 च्या पोटवेंचणूके खातीर आयतार ता. 5 जानेवारी 2020 दिसा मतदान जावपाचे आशिल्ल्यान ह्या प्रभागातलीं सगळीं परवानाधारक सोरो विक्रीची बारां आनी दुकानां ता. 4 जानेवारीच्या शुन्य वरासावन ते ता. 6 जानेवारीक मतमेजणीच्या दिसा मध्यान्न रातीमेरेन बंद दवरपाचे निर्देश सरकारान दिल्यात. बार्र आनी रेस्टोरंट आशिल्ल्या आस्थापनांक फकत खावपाचे जिन्नस विकपाक मेळटले आनी तशीं सुचोवणी दिवपी बोर्ड लावचे पडटले.

तशेंच वयल्या काळांत सोऱ्याची येरादारी वा लागी बाळगुपाकय निर्बंध लागू केल्लो आसून प्रभागात खंयचीय व्यक्ती आपल्या कुटुंबातल्या वांगड्या सयत बियर सोडून भारतीय बनावटीच्या विदेशी सोऱ्याची वा विदेशी सोऱ्याची पाऊण बाटली आनी 650 एमएलच्यो स बियरीच्यो बाटल्यो आनी देशी सोऱ्याची पाऊण बाटली एका जाग्यावयल्यान दुसऱ्या जाग्यार व्हरपाक शकतली वा आपल्या लागी बाळगुपाक शकतली.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/08

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA